13.02.2025 @ 8.40 am

1. 12 लाख रुपया करमुक्त उत्पन्नाचो इतिहासीक निर्णय आकांक्षी भारताची खर्च क्षमता वाडयतलो. अशें केंद्रीय वाणिज्य आनी उद्देग, इलॅक्ट्रॉनिक्स आनी म्हायती तंत्रज्ञान राज्यमंत्री जितिन प्रसाद हांणी गोंयांत उलयताना सांगलें.

2. मध्य प्रदेश, महाराष्ट्र आनी हेर मुखेल टोमॅटो उत्पादक राज्यांनी टोमॅटोच्या घसरत्या किमती लक्षात घेवन सरकारन बाजार हस्तक्षेप योजनेच्या वाहतूक घटकाच्या अंमलबजावणीक मान्यताय दिल्या.

3. वसुधैव कुटुंबकमच्या दृष्टिकोनासयत राजकी स्थिरताय आनी सुशासनाक लागून भारतान संवसारीक फुडारपणांत केंद्रस्थान मेळयल्या, अशेंलोकसभा अध्यक्ष ओम बिर्ला हांणी म्हणला

4. येणावळ कर विधेयक, 2025 फाल्यां लोकसभेंत मांडटले.

5. आयज संवसारीक रेडिओ दीस मनयतात.

6. प्रधानमंत्री सूर्य घर मुफ्ती बिजली येवजण आयज एक वर्स मनयता.

Jitin 115

12 लाख रुपया करमुक्त उत्पन्नाचो इतिहासीक निर्णय आकांक्षी भारताची खर्च क्षमता वाडयतलो. अंदूंचो अर्थसंकल्प प्रधानमंत्र्यांच्या सुदारणा, कामगिरी आनी परिवर्तन हया मंत्राचेर आदारीत आसा अशें केंद्रीय वाणिज्य आनी उद्देग, इलॅक्ट्रॉनिक्स आनी म्हायती तंत्रज्ञान राज्यमंत्री जितिन प्रसाद हांणी गोंयांत उलयताना सांगलें. केंद्रीय अर्थसंकल्प 2025 वेल्या संवाद कार्यावळींत ते उलयताले. 12 लाख रुपया मेरेन उत्पन्न करमुक्त करपाचो इतिहासीक निर्णय आकांक्षी भारताक खर्च करपाची शक्त दिवन भारतीय अर्थवेवस्थेक चालना दितलो अशें मंत्र्यांन फुडें सांगलें. हया निर्णयाक लागून 8 कोटी करदात्यां मदल्या 7 कोटी करदात्यांक व्हड फायदो जातलो अशें प्रसाद हांणी सांगलें. कोवीड,

आंतरराश्ट्रीय संघर्श आनी हवामान बदल अशा तिनूय आव्हानां कडेन देश येसस्वीपणान झुजलां अशें मंत्र्यांन सांगलें. ह्या वेळार मुख्यमंत्री प्रमोद सावंत आनी भाजपा राज्य अध्यक्ष हाजीर आशिल्ले.

Trai 80

भारतीय दूरसंचार नियामक प्राधिकरण TRAI न अनपेक्षित व्यावसायिक संप्रेषणाविरुद्ध ग्राहक संरक्षण अधिक मजबूत करपाक दूरसंचार वेपारी संचारण गिरायक प्राधान्य नेम 2018 त दुरुस्ती केलां.

गिरायकां खातीर चड पारदर्शक वेपारी संचारण पर्यावरण प्रणालीक चालना दिवपाचो सुदारीत नेमाचो हेतू आसा अशें दूरसंचार मंत्रालयान निवेदनांत म्हणलां. सादर केल्या सुधारणा भागधारकांच्या अभिप्रायार आणि गिरायकच्या हक्कांक घटमूट करपा खातीर आणि दूरसंचार संसाधनांचा गैरवापर रोखपाक व्यापक अंतर्गत चर्चांचेर आधारित आसात,तेच बरोबर नोंदणीकृत संस्थां कडल्यान कायदेशीर वेवसायीक संचारण गिरायकांच्या निवडीचेर आनी संमतीचेर आदारीत आसात हाची खात्री करपाचो हेतू आसा.

Tomato 65

मध्य प्रदेश, महाराष्ट्र आनी हेर मुखेल टोमॅटो उत्पादक राज्यांनी टोमॅटोच्या घसरत्या किमती लक्षात घेवन सरकारन बाजार हस्तक्षेप योजनेच्या वाहतूक घटकाच्या अंमलबजावणीक मान्यताय दिल्या.

हे येवजणे खाला उत्पादक राज्यांतल्यान टोमॅटो, कांदो आनी बटाटाच्या पिकांचो सांठो आनी हेर गिरायक राज्यांनी व्हरपा खातीर जाल्लो परिचालन खर्च राष्ट्रीय सहकारी गिरायक महासंघ आनी राष्ट्रीय शेतकी सहकारी विपणन महासंघ सारक्या केंद्रीय नोडल एजन्सींक परत दितले अशें कृशी मंत्रालयान निवेदनांत म्हणलां.

Birla 110

भारत फकत संवसारीक वेवसाय आनी गुंतवणुकीच्योच संधच धीना तर संवसारीक वेव्हारांत फुडारपण आनी उपाय लेगीत प्रदान करता अशें लोकसभा अध्यक्ष ओम बिर्ला हांणी स्पश्ट केलां. संसद संकुलांत 16 देशांतल्या 100 हून अधिक सीईओ, मालक आनी नामनेच्या कंपनींच्या संस्थापकांच्या शिश्टमंडळाक संबोधीत करतना वसुधैव कुटुंबकमच्या दृष्टिकोनासयत राजकी स्थिरताय आनी सुशासनाक लागून भारतान संवसारीक फुडारपणांत केंद्रस्थान मेळयल्या, अशें बिर्ला हांणी सांगलें. देशाच्या मार्गाक आकार दिवपाक आनी समृध्दीक फावो अशें वातावरण तयार करपाक भारताच्या मुळाव्या लोकशाय तत्वांचें म्हत्व तांणी उक्तायलें.भारताची अर्थीक प्रगती आनी संवसारीक मळार ताची वाडत आशिल्ली प्रतिश्ठा समजून घेवपाची इत्सा शिष्टमंडळान उक्तायली. ह्या संवादांत शिष्टमंडळान भारताच्या उदरगतीक चालना दिवपी धोरणां विशीं आनी आंतरराष्ट्रीय समुदायांत ताची विकसीत जावपी भुमिका विशीं जाणून घेवपाचो यत्न केलो.

Bill 70

येणावळ कर विधेयक, 2025 फाल्यां लोकसभेंत मांडटले. आयकरा संबंधित कायद्याचे एकत्रीकरण आणि सुधारणा करणच्या उद्देशान हे विधेयक सभागृहाच्या कामकाजात सूचीबद्ध केला. अर्थमंत्री निर्मला सीतारामन हांणी आपल्या अर्थसंकल्पीय भाशणांत नवीन आयकर विधेयक हाडपाची घोषणा

केल्ली. 12 लाख रुपया मेरेन वर्सुकी येणावळ आशिल्ल्या व्यक्तींक कसलोच येणावळ कर भरचो पडचो ना अशेंय तांणी जाहीर केल्लें. संसदेच्या अर्थसंकल्पीय अधिवेशनाच्या पयल्या भागाचो निमाणो दीसा वक्फ (दुरुस्ती) विधेयक, 2024 विशींचो संयुक्त समितीचो अहवालय फाल्यां लोकसभेंत मांडपाचो आसा.

Pension 100

आज नवी दिल्लींत बारावी अखिल भारतीय पेन्शन अदालत जातली. कार्मिक, भौशीक कागाळी आनी पेन्शन मंत्रालयाचे राज्यमंत्री डॉ. जितेंद्र सिंग ह्या कार्यावळीचें अध्यक्षपद सांबाळटले. 12व्या पेन्शन अदालतांत दीर्घकाळासावन प्रलंबित पेन्शन प्रकरणांच्या निराकरणावर लक्ष केंद्रित करतली.ह्या कार्यावळींत गृह मंत्रालय, संरक्षण मंत्रालय, केंद्रीय पेन्शन लेखा कार्यालय, केंद्रीय प्रत्यक्ष कर मंडळ, घरां आनी शारी वेव्हार मंत्रालय, रेल्वे आनी हेर 16 मंत्रालयां आनी खातें हाजीर आसतले. ह्या कार्यावळी वेळार मंत्रालयां संबंदीत 180 प्रकरणांचेर चर्चा जातली.दीर्घकाळासावन प्रलंबित पेन्शन प्रकरणांच्या कागाळींचे थंयच निराकरण करपा खातीर एकूच मंच दिवप हो पेन्शन अदालताचो मुखेल हेत आसा. तशेंच पेन्शन संबंदीत कागाळींचे निवारणा खातीर एक अतिरिक्त मंच दिता, जाका लागून दाव्या खातीर न्यायालयांत वचपाची गरज उणी जाता.

रेडिओ 220

आयज संवसारीक रेडिओ दीस. दर वर्सा 13 फेब्रुवारीक रेडिओच्या महत्त्वाबद्दल लोकां मदीं जागृताय निर्माण करपा खातीर आनी रेडिओ वरवीं म्हायती मेळोवपाक प्रोत्साहन दिवपा खातीर संवसारीक रेडिओ दीस मनयतात. जिविताक स्पर्श करपी आनी संवसारांतल्या सगळ्या कोनशांतल्यान लोकांक एकठांय हाडपी रेडिओच्या अद्वितीय शक्तीचोय उगडास करपाचो हो दीस. अंदू संवसारीक रेडिओ दिसाचो विशय - रेडिओ आनी हवामान बदल. संवसारीक रेडिओ दिसा दिसा दिल्ल्या संदेशांत युनेस्कोची महासंचालक ऑड्रे आझोले हांणी सांगलें की संवसारीक रेडिओ दीस हो टिकावू, बहुमुखी आनी व्यापकपणान उपलब्ध आशिल्ल्या संवाद साधनांचो उत्सव मनोवपाची संद. नेटान बदलपी संवसारांतल्या हवामानांतल्या बदलाचो परिणाम कमी करपाक आनी तांकां अनुकूल करपाक

रेडिओ कसो वावुरता ताका आमी  आदरांजली ओपतात अशें तिणें सांगलें, प्रसार भारतीचे अध्यक्ष नवनीत कुमार सहगल हांणी म्हणले की, एका राष्ट्राच्या संस्कृतीक आनी अर्थीक उदरगतींत, खबरो आनी म्हायती प्रसारणा वरवीं रेडिओची म्हत्वाची भुमिका आसा. बहुजन हिताय बहुजन सुखाय ह्या बोधवाक्यान संवसारांतलें सगळ्यांत व्हडलें रेडिओ नेटवर्क ऑल इंडिया रेडिओ देशांतल्या लोकां मेरेन पावता अशें तांणी सांगलें.

श्रोत्यांक  शुभेच्छा दितना, प्रसार भारतीचे मुख्य कार्यकारी अधिकारी गौरव द्विवेदी हांणी म्हणले की, एके वटेन आकाशवाणी ही भारताची गिरेस्त संस्कृताय आनी परंपरांची वाहक आनी दुसरे वटेन भारतांतल्या वैज्ञानिक प्रगतीच्या प्रवासाक व्हड प्रमाणांत लोकांक जोडटा.असो एकय तांस ना जो आकाशवाणीन अस्पर्शित दवरला अशे तांणी म्हणलें, संवसारीक रेडिओ दिसा शुभेच्छा दितना आकाशवाणीची  महासंचालक डॉ. प्रज्ञा पालीवाल गौर हाणी म्हणलें की, "सुमार णव दशकां थावन आकाशवाणी म्हायती, शिक्षण, मनरिजवणे वरवी  आयकप्यां मेरेन पावता."

सूर्य घर 110

प्रधानमंत्री सूर्य घर मुफ्ती बिजली येवजण आयज छप्पराचेर सौर पॅनल लावन फुकट वीज दिवन घरांक सक्षम करपाचें एक वर्स मनयता. अंदू 27 जानेवारी मेरेन हाचो लाव 8.40 लाखां परस चड  कुटुंबांक मेळ्ळा. 13 फेब्रुवारी 2024 दिसा सुरू जाल्लो हो उपक्रम भारताच्या अधिक शाश्वत फुडाराक चालना दिता, देशभरांतल्या घरांक निवळ, अक्षय ऊर्जा प्रदान करता. हे येवजणेंतल्यान 40 टक्क्यां मेरेन अनुदान मेळटा, जाका लागून अक्षय ऊर्जा अधिक परवडणारी आनी सुलभ जाता. आतां मेरेन सुमार 4,300 कोटी रुपया केंद्रीय अर्थीक मजत म्हणून 5.54 लाख निवासी गिरायकांक वितरित  केल्यात, जातुन दरेका कुटुंबाक सरासरी 77 हजार रुपयां परस चड अनुदान मेळटा.. ते भायर सुमार 45 टक्के लावार्थ्यांक आतां सौर उर्जा निर्मिती आनी वापर पद्दतीचेर आदारीत शून्य वीज बिलां शून्य मेळटात.

महंत 50

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी राम जन्मभूमि मंदिराचे मुखेल पुजारी महंत सत्येंद्र दास हांच्या मरणा बद्दल शोक व्यक्त केला. सोशल मिडिया पोस्टांत मोदी हांणी देशाच्या आध्यात्मिक आनी समाजीक जिणे खातीर महंतजीन दिल्लें अमूल्य योगदानाचो उगडास केलो. धर्मीक विधी आनी शास्त्रांचो तज्ञ महंतजीन आपलें पुराय जिवीत भगवान श्री रामाचे सेवेक ओंपलें असो उल्लेख तांणी केला.

रिझर्व्ह बँक 150

रिझर्व्ह बँक ऑफ इंडिया (RBI) न घोषणा केल्या  की ते रोकडीच महात्मा गांधी (नवीन) मालिकेतली ₹५० मूल्याच्या नोटा जारी करतले जाचेर गव्हर्नर संजय मल्होत्रा हांची सय आसतली.  ह्या नोटांची रचना अपरिवर्तित उरतली आनी सगळ्या बाबतींत महात्मा गांधी (नवी) माळेंतल्या सद्याच्या ₹50 नोटीं सारकीच आसतली. तशेंच रिझर्व्ह बँकेन आदीं जारी केल्ल्यो सगळीं ₹50 नोटी कायदेशीर उरतलीं.

मजगती कोटक महिंद्रा बँक लिमिटेडन बँकेपर्यवेक्षी हुस्क्याचेर उपाय काडल्या उपरांत आनी गरजेचे उपाय चालीक लायल्या उपरांत भारतीय रिझर्व्ह बँकेन महिंद्रा बँक लिमिटेडचेर लादलेले वेवसायीक निर्बंध काडून उडयल्यात. 24 एप्रील 2024 दिसा आरबीआयन बँकेक ऑनलायन आनी मोबायल बँकिंग चॅनलांतल्यान नव्या गिरायकांक ऑनबोर्डिंग करप बंद करपाक आनी नवे क्रेडीट कार्ड जारी करप बंद करपाक निर्देश दिले. ताका जाप दितना कोटक महिंद्रा बँकेन सुधारात्मक उपाययोजना करून पालन अहवाल सादर केलो आनी आरबीआयचे मान्यतायेन बाह्य ऑडिट सुरू केले. बँकेच्या सादरीकरणांचो आनी घेतिल्ल्या उपायांचेर नियाळ घेतले उपरांत आतां रिझर्व्ह बँकेन हे निर्बंध काडून उडोवपाचो निर्णय घेतला. ह्या निर्णया संबंदीं बँकेक सविस्तर पत्र धाडलां.

आयएमडी 95

भारतीय हवामानशास्त्र विभाग (IMD) न फाल्यां मेरेन अरुणाचल प्रदेश, आसाम आनी मेघालयांत गडगडपा वांगडाच हलको पावस आनी बर्फ पडपाचो अदमास काडला आनी आयज अरुणाचल प्रदेशांतल्या कांय वाठारांनी व्हड प्रमाणांत पावस

पडपाची शक्यताय आसा. फाल्यां मेरेन नागालँड, मणिपूर, मिझोराम, त्रिपुरा आनी उपहिमालयन अस्तंत बंगाल आनी सिक्किम हांगाय हलको पावस पडपाची शक्यताय आसा अशें आयएमडीन सांगलां. जम्मू-काश्मीर आनी ताच्या भोंवतणच्या वाठारांचेर उण्या पांवड्यावेलें चक्रीवादळाचें परिभ्रमण दिसून येता अशें हवामान खात्यान सांगलां.

आनी आता खबरो सोपोवचे पयली काय मुखेल खबरो

आनी ईतल्यान ह्यो राष्ट्रीय  खबरो सोपल्यो. आकाशवाणी पणजीच्या खबरा विभागाचे मुखावेले राष्ट्रीय खबरापत्र तुमका आयकूंक मेळटलें सांजेच्या ६.३० मिनिटांचेर नमस्कार

-----------------